२२.०४.२०२६ 7.20 pm

- गोंय सरकाराचे library धोरण 2034 क मंत्रिमंडळान आयज मंजुरी दिल्या.,
- गोंय राज्य वेंचणूक आयोगान 10 मे 2026 दिसा जावपी चार पंचायती वाड्यांच्यो पोटवेंचणूक जाहीर केल्या
- नगर नियोजन खात्यावतीन केळशी हांगच्या जमिनीचे रिस्टोरेशनाचे काम हातन घेतला, जमनिच्या रुपांतरणाचे न्हंय अशे स्पश्टीकरण नगर नियोजन खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या
- 17 वर्सां सकयल्या चले आनी चलयां खातीर बीच व्हॉलीबॉल सर्त 21 ते 23 एप्रील 2026 मेरेन जातली

rashmi 80

गोंय सरकाराचे library धोरण 2034 क मंत्रिमंडळान आयज मंजुरी दिल्या.,बेगीनुच हे धोरण चालीक लायतले अशी म्हायती मुखएलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंत्रिमंडळाच्य बसके उपरांत दिली. आदल्या गोवा library act १९९३ दुरुस्ती करुन हे धोरण चालीर लावपाचे सरकारान येवजीला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. राज्यातल्यो ९० लायब्ररीचे इ लायब्ररी करपाचे काम सरकारान कला आनी संस्कृती खात्यावरवी सुरु केला. हांतुल्लयो सुमार १२ लायब्ररींचे इ – लायब्ररीत रुपांतरण जाला अशीय म्हायती तांण दिल्या. ग्रथंपालांक प्रशिक्षण दिवप, तशेचं राज्यात आशिल्लया लायब्ररीचे नुतनीकरण, स्पर्धा परीक्षा, तशेचं हेर महत्वाच्य पुस्तकांचो अशा लायब्ररीत आसपाव करपाचे काम सुरु जाला.

रश्मी 80

गोंय राज्य वेंचणूक आयोगान 10 मे 2026 दिसा जावपी चार पंचायती वाड्यांच्यो पोटवेंचणूक जाहीर केल्या.ह्या वेंचणुकेंत सत्तरीचो सातवो प्रभाग आनी प्रभाग एक तिसवाडीचो तिसरो प्रभाग आनी सासश्टीचो प्रभाग एक हांचो आस्पाव जातलो. हे वेंचणुकेच्या फांटभुयेर 20 एप्रील सावन आचारसंहिता लागू जाल्या आनी ती फकत संबंदीत वॉर्डांक लागू जातली. नामांकनां दाखल करपाची निमाणी तारीक 28 एप्रील, छाननी 29 एप्रील आनी अर्ज फाटीं घेवप 30 एप्रील ह्या प्रमाण जातले.

10 मे दिसा सकाळीं 8 ते सांजे 5 मेरेन मतदान जातलें, आनी 11 मे दिसा मतमेजणी जातली.

रश्मी 70

नगर नियोजन खात्यावतीन केळशी हांगच्या जमिनीचे रिस्टोरेशनाचे काम हातन घेतला, जमनिच्या रुपांतरणाचे न्हंय अशे स्पश्टीकरण नगर नियोजन खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या. केळशी वाठारातल्या सुमार 31,718 चौखण मिटर जागेचे नगर नियोजन खात्याचे कलम ३९ अ चो उपेग करुन रुपातरण जाता असो वाद हाली तलाव्या लोकांनी उप्रासित केल्लो. हे विंशी स्पश्टीकरण दितना मुखएलमंत्र्यान संबंधित जाप दिला. जाल्यार गोंयची शेता भाटा राखपाक नगर नियोजन खाते महत्व दिता, जमनिच्य रुपातरणांक न्ही अशे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.byte राणे

सुशांत 100

राष्ट्रीय पात्रताय प्रवेश चांचणी म्हळयारच नीट परिक्षा 3 मे क जातली. ह्या परिक्षे संबंदी प्रशासनान केल्ली तयारी पळोवपा खातीर आयज दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एगना क्लीटस हांच्या अध्यक्षते खाला माथानी साल्ढाना प्रशासन इमारतींत बसका जाली. ही परिक्षा सुटसुटीत आनी त्रासमुक्तपणान चलची हे खातीर घेतिल्ल्या उपायांचेर भासाभास जाली. सगल्या केंद्रांनी आपत्कालीन आनी वैजकी मजतीची सुविधा आनी सेवा दिवपाचेर बसकेंत भर दिलो. तेच प्रमाण वीज खात्याच्या अधिकाऱ्यांक अखंड वीज पुरवण सुनिश्चीत करपाची आनी तातूंत कसलोच त्रास जावचो न्हय अशी सुचोवणी दिली. वेगवेगळया सक्षम आनी शारिरीक आव्हान आशिल्ल्या उमेदवारांक व्हीलचेर आनी हेर वेवस्थेचो नियाळ घेतलो.

तशेंच उमेदवारांक परीक्षा दिवांक व्यवस्थित कुडी, उदकाची सुविधा, हवामानाची वेवस्था हांचेरय बसकेंत चर्चा जाली.

रश्मी 50

बांदकामा संबंदीत वाहनांक नोंदणी करतनाच शुल्क भरचें पडटलें; नूतनीकरण करपाची गरज ना. अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांण आज मंत्रिमंडळाच्य बसके उपरांत दिल्या.हे शिवाय खण वेवसायात आशिल्लया ट्रकांकारांच्य रिणां खातीर एकरकमी रिणाची सवलत येवजण 2027 मेरेन वाडयल्या अशीय म्हायत तांणी दिल्या. नव्या आनी नवीकरणीय उर्जा खात्या र स नव्या पदां खातीर मंत्रिमंडळात मान्यताय दिल्याच म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

रश्मी/गणेश 50

सेंट फ्रान्सिस झएवियर हांचेआड विधान करपी आनी गोंयात धर्मवाद चिघळोवन घालपी गौतम खट्टर हांचे विंशी गोंय पुलिशिचो पंगड देहरादुन तांच्या घरा तांका अटक करपाक पावला. मात थंय खट्टर मेळुंक ना. ताचो सोद सध्या सुरु आसा. तो मेळतकच रोखडेच ताका

गोंयांत हाडटले. ह्या प्रकरणाकडेन आपले बारकायेन लक्षआसा. तशेचं पुलिस म्हासंचालक ही केस मोनिटर करतात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

रश्मी 100

पणजी मळा वाठारातल्या तल्यातले उदक प्रदुशित जांवन उदकाचो दर्जो इबाडपा खातीर बेगोबेग उपाय काडपाचे निर्देश मंगळारा उच्च न्यायालयान दिल्यात. ह्या प्रकरणाची फुडली सुनावणी सोमारा 27 एप्रीलाक जावपाची आसा.कोर्टान पणजी शार म्हामंडळाक आनी हेर संबंदीत अधिकाऱ्यांक ह्या प्रकरणांत पक्ष केला.तशेंच प्रदुशण नियंत्रण मंडळाक एकठांय केल्ल्या उदकाच्या नमुन्यांचेर अहवाल सादर करपाचो निर्देश दिला. केल्ल्या चांचण्यांनी उदकांत विरगळिल्ल्या ऑक्सिजनाची पातळी दर लिटराक ०.८ मिग्रॅ मेरेन देंवल्या, जी दर लिटराक सामान्य पातळे परस खूब सकयल आशिल्ल्यान नुस्त्यांक मरण आयलां अशें ॲडव्होकेट जनरल देविदास पंगम हांणी म्हायती दिली.सोमारा मेरेन अहवाल येवपाची अपेक्षा आसा आनी न्यायालयांत सादर करतले, ताचेर आदारीत योग्य उपाय करतले अशें ताणी सांगलें.

Dip 110

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज खांडोळें हांगाच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य म्हाविद्यालय कॅम्पसांत नव्यान बांदिल्ल्या ‘अहिल्या’ ह्या चलयांच्या वसतीघराचें उक्तावण केले. प्रियोळ मतदारसंघाचे गोविंद गावडे, कुंभारजुवा मतदारसंघाचे आमदार राजेश फळदेसाय, जीएसआयडीसी चे वेवस्थापकीय संचालक रोहित कदम, हेर मानेस्त आनी अधिकारी उक्तावण कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी नारी शक्ति सशक्तिकरण ही आमची जापसालदारकी आनी विकसीत समाजाची बुन्याद आशिल्ल्याचें सांगून सरकाराचे आस्पावीत विकासाचे उद्दीश्ट पुराय करपा खातीर बायलांच्या सशक्तिकरणाक प्राधान्य दिवपाची गरज आशिल्ल्याचें नमूद केले. बायला सुशिक्षीत, सुरक्षीत आनी स्वावलंबी जाल्याबगर समाजाची उदरगत जावपाक शकना आनी गोंयच्या दरेक चली भुरग्याक आपले शिक्षण कसल्याच आडमेळी बगर घेवपाक मेळचे, हे खातीर सरकार कटीबद्द आसा, अशें तांणी सांगलें.

रश्मी 40

रान खात्याचे अधिकारी ओंकार हत्तीक धरपाच्या वाटेर आसात आसात आनी तो वंतराकडे दिवपाची येवजण आसा अशें रानमंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें. ओमकार हत्तीचो पेडण्या मोपा.कडशे चलील्ल्याा धुमाकुळाच्या फांटभुयेर पेडणेचो आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी आपल्या हत्तीवीशीची परीस्थितीची म्हायती दील्या अशे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

प्रसाद 50

गोंयांत खेळा संस्कृती रुजोवपाक सरकार काम करता, गोंय हे पर्यटन राज्य मात गोंयातं खेळा पर्यटन फुलचे हाचे कातीर लेगीत सरकारान काम सुरु केला अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. school games federation of indiaच्या ६९ व्या नॅशनल स्कुल गेम्साचे बीच वॉलीबॉल टुअरनामेन्टांचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंगळारा उक्तावण केले.

प्रसाद 60

खेळां मंत्री रमेश तवडकार हांणी आयज फोंडांत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत भगवान बिरसा मुंडा लक्ष सिद्धी येवजणे विशीं म्हायती दिली. हे येवजणे खाला आदिवासी विद्यार्थ्यांक खाजगी प्रशिक्षण शिक्षण घेवपाक आनी जेई ई नीट सारक्या परिक्षेक तयार जावपाक मार्गदर्शन करपा खातीर सरकारान ही येवजण घडोवन हाडल्या. हाचे खाला धावी वर्ग पास जाल्ल्या विद्यार्थ्यांक फुडल्या दोन वर्सां खातीर खाजगी प्रशिक्षण घेवपा खातीर तीन लाख रुपया मेरेन शुल्क दितले अशी म्हायती खेळां आनी आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी दिली

सुभाष 50

भगवद्गीतेंत सगळ्या वेदांचें सार आसा, देखून भगवद्गीता आत्मसात केल्यार लेगीत वेद वाचन केल्ल्याचो लाव जातलो अशें राज्य शिक्षण संशोधन मंडळाचे आदले संचालक नागराज होन्नेकेरी हांणी सांगलें. गोमंतक संस्कृत मंडळाच्या शांकर पाठशाळेन आयोजीत केल्ल्या पुस्तक प्रकाशन सुवाळ्यांत ते उलयताले. महेश कापडी आनी अनघा कापडी हांणी संपादीत केल्लें शब्दरुपावली हें संस्कृत पुस्तक काल प्रदर्शीत जालें.

रश्मी 60

नामनेचे मराठी गायक महेश काळे हांचे महेश काळे इन्फ्युजन' संगीत महोत्सव गोyaat आयोजीत केला. ह्या महोत्सवांत शास्त्रीय संगीताक एक वेगळो आनी आधुनीक स्पर्श दिला. ह्या महोत्सवा वरवीं यत्न म्हळ्यार तरणाट्या पिळगेक मराठी शास्त्रीय संगीता कडेन आकर्शीत करप अशें 'कल्चरल हाऊस' हे संस्थेचे संस्थापक निलेश मूर्ति हांणी सांगलें. ही कार्यावळ ३० मे क सांजवेळा ६:३० वरांचेर बांबोलीच्या श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमांत जावपाची आसा.

स्पोर्ट्स 40

17 वर्सां सकयल्या चले आनी चलयां खातीर बीच व्हॉलीबॉल सर्त 21 ते 23 एप्रील 2026 मेरेन मिरामार हांग भारतीय शाळा खेळां महासंघान आनी खेळां आनी तरणाटे वेव्हार आयोजीत केल्ल्या

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान 34.2 डिग्री celcius नोंद जाला जालयार किमान तापमान 2५.८ डिग्री celcius नोंद जाला

Announcement 40

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल मेरेन अर्ज करू शकतात तशेच आकाशवाणी पणजी न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर नैमितिक पदा खातीर तात्पुत्या करारा खातीर अर्ज मागयता. अर्ज करपाक निमणी तारीख 17 मे आसा